# नाविकांक कळोवणी

ता. 12 सप्टेंबर 2024

स्किफ सेलिंग असोसिएशन प्रा. ली., कल्याण ठाणे हांणी 13 ते 17 सप्टेंबर 2024 मेरेन सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 ह्या वेळेत हवाई बीच, दोनापावला हांगाच्या दर्या वाठारांत सेलिंग प्रशिक्षण शिबीर आयोजीत केला.

ते खातीर जुवारी न्हंयत वयल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी प्रशिक्षणाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/480

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.